कदंब कर्मचाऱ्यांचो फाल्यांचो संप फाटीं

एस्मा लागू केले उपरांत जाल्ले बसकेंत तोडगो

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

पणजी: एस्मा लागू केले उपरांत कदंब वेवस्थापन आनी कर्मचारी संघटणे मदीं जाल्ले बसकेंत तोडगो आयिल्ल्यान कदंब कर्मचाऱ्यांनी 12 नोव्हेंबराक जाहीर केल्ली संप फाटीं घेतला. सेवेंत कायम करपा सयत हेर मागण्यांचेर चर्चा जावन त्यो पुराय करपाचें लेखी आस्वासन मेळ्ळे उपरांत संप फाटीं घेवपाचो निर्णय जालो.

कदंबाचे वेवस्थापकी संचालक रोहन कासकार आनी कर्मचाऱ्यांचे फुडारी ख्रिस्तोफर फोन्सेका हांणी ही म्हायती दिली. तातपुरत्या कर्मचाऱ्यांक सेवेंत कायम करप, पगारवाड, रातीं रावपा खातीर रेस्ट रुम्स आनी हेर सुविधा अश्यो तरेकवार 20 मागण्यो कदंब कर्मचाऱ्यांनी केल्ल्यो. ह्यो मागण्यो मान्य जाल्यो नात,



जाल्यार 12 नोव्हेंबरा सावन बेमुजत संपार वचपाची शिटकावणी कर्मचारी संघटणेन दिल्ली. कदंब कर्मचारी संघटणेची साबार बसका जाली. हे बसकेंत हो निर्णय जालो. कदंब कर्मचाऱ्यांच्या मागण्यांचेर विचार जातलो. तांणी संपार वचें ह्य, अशें आवाहन कदंब म्हामंडळाचे अध्यक्ष उल्हास नायक तुर्केार हांणी केल्लें.

इतले मजगतीं, कदंब कर्मचाऱ्यांनी संपाची नोटीस दिले उपरांत सरकारान येरादरी सेवे खातीर एस्मा लागू केल्ली.

मंगळार सांजे कदंब वेवस्थापन आनी कर्मचाऱ्यांची बसका जाली. हे बसकेंत तोडगो आयलो. कदंब म्हामंडळाचे वेवस्थापकी संचालक रोहन कासकार, सरवेवस्थापक मेहेंद्र पेडणेंकार, आयटकचे ख्रिस्तोफर फोन्सेका, चंद्रकांत चोडणकार, अँड. सुहास नायक आनी सहाय्यक कामगार आयुक्त प्रसाद पेडणेंकार बसकेक हाजीर आशिल्ले.

गोंयांतल्या तृतीयपंथियाचो ओबीसी प्रवर्गांत आस्पाव

पणजी: गोंय सरकारान राज्यांतल्या तृतीयपंथियांक समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन मागास जाहीर करून तांची हेर मागासवर्गियांच्या (ओबीसी) राज्य वळेंतें आस्पाव केला. ताका लागून तृतीयपंथियांक शिक्षणीक संस्थां मदलो प्रवेश आनी सरकारी नोकऱ्यां मदल्यो आरक्षणाचो लाव मेळपाचो मार्ग मेकळो जाला.

सर्वोच्च न्यायालयान 15 एप्रील 2014 दिसा दिल्ल्या इतिहासीक निर्णयाचे फाटभुंयेर तशेंच गोंयांतल्या तृतीयपंथियांच्या समाजीक आनी शिक्षणीक परिस्थितीचो विचार करून सरकारान हो निर्णय घेतला. गोंय राज्य मागासवर्ग आयोगान 6 जून 2023 दिसा सादर केल्ल्या शिफारशींचोय हे खातीर विचार केला.

आरोपीक फांशी दिवपाची मागणी

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

म्हापशें: चार वर्सां पियेचे सान चलयेचेर घडिल्ल्या कथीत लैंगीक अत्याचाराच्या निशेथार्थ आनी पिडेतेक न्याय मेळोवन दिवपा खातीर म्हापशें शारांतले नागरीक रस्त्यार देंवले. एक म्हापसा, एक आवाज, न्याया खातीर एक लढो ह्या बावटल्या खाला छत्रपती शिवाजी महाराज यादस्तिका कुशीक विविध मळां वेल्या नागरिकांनी एकठांय येवन घडणुकेचो निशेध करून नेटांचीं निदर्शनां केलीं. नराधम आरोपीक रोखडीच अटक करून ताका फांशी दिवची अशी मागणी तिडकल्ल्या आंदोलकांनी केली.

ह शिशेध सभेत उलयतना सिद्धार्थ मांद्रेंकार, अमेय नाटेकार, मयूर सावकार, कमल डिसोझा, फिरोज खान, गुरुप्रसाद पावसकार, राजश्री गडेकार हांचे सयत खूबशा उलोवप्यांनी तिडक उकतायली. बायलांक आनी भुरग्यांचे सुरक्षे खातीर प्रशासनान तांकतिकेच्यो खर उपाय येवजण्यो करच्यो अशी मागणी ह्या वेळार केली. म्हापशें शारांत भोंवली भिकारी आनी फेरीवाल्यांची पुलीस पडटाळणी करची, बेकायदो रस्त्या वेल्या विक्रेत्यांचेर खर करवाय करची अशीय मागणी तांणी केली.

घडणुकेक तीन दीस जावन लेगीत आरोपी अजून मेळूंक नाशिल्ल्यान आटल्यो नगरसेविका कमल डिसाझा हांणी पुलीस प्रशानाचेर निरशेवणी उकतायली. पुलिसांक आरोपीक धरपा खातीर सोमार 48 वरांचो वेळ दिला. दिल्ले मुजतींत अटक जाली ना जाल्यार म्हापशें शार बंद आंदोलनाची शिटकावणी तांणी दिली.

विकास देयकार आनी दुबावीत बायलेक स दिसांची पुलीस कोठी

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

पणजी: रायबंदर गुग्यांव फांटच्याचे कचेंरेत 16 वर्सां पिरायेचे नेप्ष्टे चलयेरें लैंगीक शोशण केल्ल्याच्या प्रकरणांत मेरशेच्या पॉक्सी न्यायालयान निलंबीत पुलीस निरिक्षक विकास देयकार आनी दुबावीत बायलेक अतिरिक्त स दिसांची पुलीस कोठी दिल्या. हे विशींचो आदेश न्या. डॉ. पुजा कवळेंकार हांणी दिलो. मजगतीं, पिडीत चलयेन न्यायालयांत दोनूय दुबावितांनी दाखल केल्ल्या जामीन अर्जाक हस्तक्षेप केला. ताचेर 16 नोव्हेंबराक सुनावणी जातली.

मुरगांव म्हालांतले पिडीत चलयेन दिल्ले कागाळी प्रमाण, निलंबीत पुलीस निरिक्षाक विकास देयकार हाणें 25 जुलय आनी 27 ऑक्टोबर दिसा तिचें लैंगीक शोशण केल्ल्याचो आरोप केलो. हे कागाळीची दखल घेवन पोरणें गोंय पुलीस निरिक्षक सतीत पडवळकार हांच्या मार्गदर्शन खाला महिला उपनिरिक्षक अंजली धुळपकार हांणी देयकार आनी संबंदीत बायले आड भारतीय न्याय संहिता तशेंच बाल लैंगीक अत्याचार प्रतिबंधक कायदो (पॉक्सो) 2012 च्या विवीध कलमा खाला गुग्यांव दाखल केला.

पुलिसांनी दोनूय दुबावितांची वळेंरेत 31 ऑक्टोबर, 2 नोव्हेंबर आनी 4 नोव्हेंबर दिसा खोलायेन चवकशी केली. ह्या चवकशी वेळार तांच्या जबाबांनी मोटी तफावत आनी विसंगती दिसून आयली. तशेंच प्रकरणांतल्या म्हत्वाच्या आनी संवदेनशील मुद्द्यांचेर समाधानकारक जापो दिवपाक हीं दोगांय अपेशी थारिल्ल्यान पुलिसांनी दोगांकूय अटक केली. उपरांत न्यायालयान त्या दोगांक पयलीं एका दिसाची पुलीस कोठी दिली. उपरांत चार दिसांनी आनीक वाडयली.

मजगतीं, त्या दोगांनीय न्यायालयांत जामीन अर्ज दाखल केला. उपरांत त्या दोगांकूय मंगळार न्यायालयांत हजर करतकूच, न्यायालयान त्या दोगांय दुबावितांक अतिरिक्त स दिसांची पुलीस कोठी दिल्या. मजगतीं, पिडीत चलयेन दुबावितांच्या जामीन अर्जाक विरोध करून हस्तक्षेप अर्ज दाखल केला. ताचेर सोमारा 16 वेर सुनावणी जातली.

मजगतीं, गुग्यांव दाखल जाले उपरांत पिडीत चलयेक मेरशी अपना घरांत दवरिल्लें. पूण तिची भलायकी इबाडिल्ल्यान तिका उपचारां खातीर बांबोळे गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाच्या (गोमेकॉ) हॉस्पिटलांत दाखल केल्या. थंय तिचेर उपचार सुरू आसात. मजगतीं, ह्या प्रकरणाची दखल घेवन पुलीस खात्यान निरिक्षक विकास देयकार हाका निलंबीत केला.

गोंयांत गरमी कायम

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

पणजी: मंगळार गोंयांतली तापमान वाड कायम आशिल्ली. 24 वरांत दाबाळे 36.4 अंश सेल्सियस चडांत चड तापमानाची नोंद जाली. पणजेंत 35.2 जाल्यार मुरगांवां 35.4 अंश सेल्सियस चडांत चड तापमान आशिल्लें. फुडले स दीस गोंयांतलें चडांत चड तापमान 33 ते 35 अंश सेल्सियस मजगतीं, उरपाची शक्यताय आसा. 16 नोव्हेंबर मेरेन गोंयांतलें वातावरण सुकें उरपाची शक्यताय हवामान खात्यान उकतायल्या.

मंगळार पणजेंत 22.5 अंश आनी मुरगांवां 22.8 अंश सेल्सियस उण्यांत उणें तापमानाची नोंद जाली. फुडले स दीस गोंयांतलें चडांत तापमान 23 ते 25 अंश सेल्सियस मजगतीं, उरपाची शक्यताय आसा.

नोव्हेंबर म्हयन्यांत गोंयांतलें चडांत चड आनी उण्यांत उणें तापमान सगसरी परस चड उरपाची शक्यताय आसा. गोंयांत दनपारां रखरखीत वत, रातच्या वेळार थंडाय जाणवताली. गोंयांत शिंयाच्या दिसांनी खर वताचो अणभव येत आसा.

उदकाचें वेवस्थापन: आव्हानां आनी संद विशयाचेर 14 नोव्हेंबराक गोवा रावंडटेबल

■ प्रतिनिधी । भांगरभूंय

पणजी: पावस घोग्यांनी पडपी गोंयांत उदकाचें प्रमाण खूब आसलें तरी तातें वेवस्थापन योग्य तेरन जावपाची गरज आसा. 'उदकाचें वेवस्थापन : आव्हानां आनी संद' ह्या विशयाचेर एका दिसाची रावंड टेबल 14 नोव्हेंबराक ताज सिदाद दे गोवा हेरिटेज, दोना पावला जातली. आदले केंद्रीय मंत्री सुरेश प्रभू, पेयजल खात्याचे मंत्री सुभाष फळदेसाय, गोंय विद्यापिठाचे आदले कुलगूरू डॉ. सतीश शेटये, निती आयोगाचे आदले उपाध्यक्ष डॉ. राजीव कुमार आनी हेर तज्ञ वेटेकार जातले.

14 नोव्हेंबराक सकाळीं 10 वरांचेर राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांचे हस्तुकीं रावंड टेबलाचें उक्तावण जातलें. सांजे जावपी समारोपाचे कार्यावळीक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांची हाजेरी आसतली. कॅप्टन (निवृत्त) यामिनी चौधरी ह्यो उक्तावणाचें उलोवप करतल्यो.

गोंयच्यो ह्यो, दर्यादेगो हांकां प्रदूशणाचो धोको निर्माण जाला. सिवरेजी खातीर मुळाव्यो सुविधा तयार करतानाच उदकाचो उपसा करपाचे नेमन करपाची गरज आसा. पॅराडायज अॅट अ क्रॉसरोडस : टायम फॉर ए हार्ड रिसेट ह्या विशयाचेर परिसंवाद जातलो. आदले केंद्रीय मंत्री सुरेश प्रभू हांचे अध्यक्षतायें खाला परिसंवाद जातलो. जेश्ठ पत्रकार आनी मिंटचे आदले वेवस्थापकी संपादक अनिल पद्मनाभन हे मॉडेरेटर आसतलें. आदले केंद्रीय मंत्री सुरेश प्रभू, इंडिया वॉटर फावंडेशनाचे संस्थापक आनी अध्यक्ष डॉ. अरविंद कुमार, डॉ. अँथनी डिसा (मध्ये प्रदेशचे आदले मुखेल सचीव), डॉ. मिहीर शाह (नामनेचे प्रोफेसर) आनी डॉ. निलांजन घोष (उपाध्यक्ष, ओआरएफ कोलकाता) हे परिसंवादांत वाटेकार जातले. परिसंवादा उपरांत प्रस्नोत्तरांचें सत्र जातलें.

गोंयच्या उदकाच्या स्थितीचेर खास सादरीकरण जातलें. गोंयचे आदले मुखेल सचीव जतिंदरपाल सिंग हांचे अध्यक्षतायें खाला हें सत्र जातलें. पेयजल खात्याचे मंत्री सुभाष फळदेसाय, बॉस्टन कन्सल्टींग समुहाचे आदले वेवस्थापकी संचालक डॉ. राहूल पै पाणंदीकार, डॉ. सतीश शेटये, आदले मुखेल अभियंते संदीप नाडकर्णी हे वाटेकार जातले.

जेवणा उपरांत ब्लू गोल्ड : बिल्डींग इंडियाज वॉटर इनोवेशन हब ह्या विशयाचेर परिसंवाद जातलो. निती आयोगाचे आदले उपाध्यक्ष डॉ. राजीव कुमार हे परिसंवादाचे अध्यक्ष आसतले. इंडिया वॉटर पार्टनरशीपचे अध्यक्ष डॉ. अलोक सिक्का, डॉ. हिमांशु कुलकर्णी (कार्यकारी संचालक, अॅडवान्स सेंटर फॉर वॉटर रिसोर्स डेवलोपमेंट अॅन्ड मॅनेजमेंट), डॉ. गोपाल कुमार, डॉ. अनुपमा मधोक, शैलजा देशपांडे (संचालक, जीवितनदी - लीवींग रिवर फावंडेशन) आनी ए. के. भट्टाचार्य (वेवस्थापकी संचालक, बिजनेस स्टँडर्ड) हे परिसंवादांत वाटेकार जातले.

समारोपाच्या कार्यावळी उपरांत ओपन हावज कार्यावळ जातली. लेखक, पत्रकार इशान जोशी हे कार्यावळीचें सुत्रसंचालन करतले.

Department of Consumer Affairs

Bureau of Indian Standards
National Standards Body of India

ब्रॅण्डाची खात्री करात ✓
वैशिश्ट्यांची खात्री करात ✓
सुरक्षीतातेची खात्री आसा??? ✓



तुमी बीआयएस मार्क तपासचो

CBC 08103/13/0008/2627

बीआयएस गुणवत्ता मार्काची खात्री कशी करची?

BIS CARE ॲप डाउनलोड करपा खातीर क्यूआर कोड स्कॅन करात

Google Play App Store

ॲप उगडून 'Verify R-Number' ह्या पर्यायावेर क्लिक करात

नोंदणी क्रमांक घालात

उत्पादनाचे सुरक्षीतताये विशीं वा बीआयएस मार्काच्या गैरवापरा विशीं कागाळ नोंद करपा खातीर 'Complaints' ह्या सुविधेचो वापर करात.

आमकां फॉलो करात : Follow us on: @Indianstandards

पंजाब नैशनल बैंक .....भरोसे का प्रतीक

pnb punjab national bank ....the name you can Bank upon!

(A GOVERMENT OF INDIA UNDERTAKING)

एआरएम बी पूर्व दिल्ली: पॉकेट-ई, मयूर विहार फेज-II,दिल्ली-110091
ई-मेल: cs8075@pnb.bank.in, फोन: 011-22779758, 22785289

स्थावर मालमत्तांच्या विक्री खातीर ई-पावणेची भौशीक कळोवणी

सिक्युरिटायझेशन अॅण्ड रिकन्स्ट्रक्शन ऑफ फायनान्शियल अॅसेट्स अॅण्ड एन्फोर्समेंट ऑफ सिक्युरिटी इंटरेस्ट अॅक्ट, 2002 आनी सिक्युरिटी इंटरेस्ट (एन्फोर्समेंट) रुल्स, 2002 च्या नेम 8(6) प्रमाण.

सर्वसामान्य भौशीक आनी खास करून कर्जदार आनी जामीनदार हांकां ह्या वरवीं कळोवपांत येता की, सकयल वर्णन केल्ली आनी सुरक्षित कर्जदात्याकडेन तारण दवरिल्ली वा बोजो घातिल्ली स्थावर मालमत्ता, जिचो रचनात्मक, प्रत्यक्ष वा प्रतीकात्मक तावो बँकेच्या वा सुरक्षित कर्जदात्याच्या प्राधिकृत अधिकाऱ्यान घेतला आसा, ती संबंदीत कर्जदार आनी जामीनदार हांचेकडल्यान बँकेची येणी वसूल करपाखातीर, सकयल दिल्ल्या तक्त्यांत नमूद केल्ल्या तारखेक 'जशी आसा तशी, जंय आसा थंय आनी जे किर्ते आसा तें' ह्या तत्त्वाचेर विकपांत येतली. सदर मालमत्तेचें राखीव मोल आनी अनामत रक्कम (ईएमडी) सकयल दिल्ल्या तकटपांत त्या त्या मालमत्तेच्या मुखार नमूद केल्ल्या प्रमाण आसतली.

सुरक्षित मालमत्तांचें वेळापत्रक

लॉट क्र.:	फाटग्राचें नांव खात्याचें नांव रिणकार आनी हमिदार हांचें नांव आनी पत्तो	सरफेसी कायदो, 2002 च्या कलम 13(2) अंतर्गत मागणी नोटिशीची तारीख मागणी नोटिशींत नमूद केल्ली रक्कम सरफेसी कायदो, 2002 च्या कलम 13(4) अंतर्गत ताबो घेतल्ल्याची तारीख: ताब्याचें स्वरूप (प्रतिकात्मक / प्रत्यक्ष / अन्वयार्थी)	तारण दवरिल्ल्या स्थावर मालमत्तेचें वर्णन / धनयाचें नांव (मालमत्ता तारण दिवपी)	राखीव मोल ईएमडी (ईएमडी भरपाची निमाणी तारीख) वाडीव बोलीची रक्कम	ई-पावणेची तारीख/वेळ	सेंक्युअर्ड क्रेडिटराक म्हायती आशिल्ल्या दायित्वांचो तपशील प्राधिकृत अधिकाऱ्यांचें नांव आनी संपर्क क्रमांक
1	योजी: गुरूग्राम मार्ग (012000) येस्स व्हॉल्ट ॲसेट रीकॉस्ट्रक्शन लि. (रिण्कार) पत्तो: ओसिस एक-3/53, गडसत्ता सक्यलो माळो, डीएलफ फेज-II, गुडगांव, हरयाणा-122002. हेर पत्तो: पयलो माळो, जय सिंग यादव कॉम्प्लेक्स, गल्ली क्रमांक 03, मुकेल कस्बहेरा मार्ग, पुलीस स्टेशन लागसार, नवी दिल्ली-110037. 824, उद्योग विहार, फेज-V, गुडगांव-122016. फ्लॉट क्रमांक 25, उद्योग विहार, गुडगाव-122016. गोंयांतल्या चाव्लो ह्या गाभा हांगाच्या मुंडेल, चाईं ह सुवारेर स्थीत 'VOI CONXI OR PEQUENO CONXI' ह्या चांवान वळखयी मालमत्ता. सदर मालमत्तेची चोद Matriz No. 321 खाला केल्ली आसा, पूण तिचें वर्णन Conservatoria do Registo Predial ह्या जमीन नोंदणी कार्यालयांत केल्ल्या ना. सदर मालमत्तेचें सर्वेक्षण मापको, गोंय हांगच्या P.T. Sheet No. 63 च्या Chalta No. 23 खाला केल्लें आसा. श्री. गिरीश कुमार स्याल, श्री. विजय कुमार स्याल (संचालक) हांचे पूढ. पत्तो: फ्लॉट क्रमांक 17ए (खा 17A), रविरा रेसिडेन्सी, सेक्टर-59, गुडगांव, हरयाणा-122001. हेर पत्तो: पयलो माळो, जय सिंग यादव कॉम्प्लेक्स, गल्ली क्रमांक 03, मुकेल कस्बहेरा मार्ग, पुलीस स्टेशन लागसार, नवी दिल्ली-110037. 5110, डीएलफ फेज -IV, गुडगांव, हरयाणा-122015. गोंयांतल्या चाव्लो ह्या गाभा हांगाच्या मुंडेल, चाईं ह सुवारेर स्थीत 'VOI CONXI OR PEQUENO CONXI' ह्या चांवान वळखयी मालमत्ता. सदर मालमत्तेची चोद Matriz No. 321 खाला केल्ली आसा, पूण तिचें वर्णन Conservatoria do Registo Predial ह्या जमीन नोंदणी कार्यालयांत केल्ल्या ना. सदर मालमत्तेचें सर्वेक्षण मापको, गोंय हांगच्या P.T. Sheet No. 63 च्या Chalta No. 23 खाला केल्लें आसा. श्री. अमीत कुमार स्याल, श्री. विजय कुमार स्याल (संचालक) हांचे पूढ. पत्तो: फ्लॉट क्रमांक 17ए (खा 17A), रविरा रेसिडेन्सी, सेक्टर-59, गुडगांव, हरयाणा-122001. हेर पत्तो: पयलो माळो, जय सिंग यादव कॉम्प्लेक्स, गल्ली क्रमांक 03, मुकेल कस्बहेरा मार्ग, पुलीस स्टेशन लागसार, नवी दिल्ली-110037. 5110, डीएलफ फेज - IV, गुडगांव, हरयाणा-122015. 824, उद्योग विहार, फेज-V, गुडगांव-122016. गोंयांतल्या चाव्लो ह्या गाभा हांगाच्या मुंडेल, चाईं ह सुवारेर स्थीत 'VOI CONXI OR PEQUENO CONXI' ह्या चांवान वळखयी मालमत्ता. सदर मालमत्तेची चोद Matriz No. 321 खाला केल्ली आसा, पूण तिचें वर्णन Conservatoria do Registo Predial ह्या जमीन नोंदणी कार्यालयांत केल्ल्या ना. सदर मालमत्तेचें सर्वेक्षण मापको, गोंय हांगच्या P.T. Sheet No. 63 च्या Chalta No. 23 खाला केल्लें आसा.	14.10.2024 (रु. 9,47,45,603.74) हे रकमेचेर पूर्ण आनी निमाणो पेमेंट जाय मेरेन लागणी फुडले कळेंतर, हेर शुल्क आनी खर्च धरून. 22.01.2025 प्रतिकात्मक	'VOI CONXI OR PEQUENO CONXI' ह्या नांवान वळखयी जमीन मुंडवेल, चाईं, वास्को द गामा, गोंय हांगा स्थीत आसा. सदर जमिनीचें क्षेत्रफळ 2167 चौ. मिटर आसा. ह जमनीची नोंद Matriz No. 321 खाला केल्ली आसा, पूण Conservatoria do Registo Predial ह्या जमीन नोंदणी कार्यालयांत तिचें वर्णन नोंदिल्लें ना. सदर जमनीचें सर्वेक्षण वास्को, गोंय हांगच्या P.T. Sheet No. 63 च्या Chalta No. 23 खाला केल्लें आसा. तिच्यो शिमो सकयल दिल्ल्या प्रमाण आसात: पूर्व: 10.00 मिटर रेंटीच्या प्रस्तावीत रस्तो. पश्चीम: आल्पाकोस टोंगुल्ली (सध्या आय.एन.एस. गोमंतकच्या ताब्यात/ मालकीची). उत्तर: फ्रान्सिस झेवियर रोझारियो हाच्या वारसांची मालमत्ता, जाचो पी.टी. शीट क्र. 43 तलो चालता क्र. 24 आसा. दक्षीण: पी.टी. शीट क्र. 63च्या चालता क्र. 21तल्या आरावजो हाच्या वारसांचे मालकीची मालमत्ता. धनयाचें नांव: वेगीत कुमार स्याल	राखीव मोल रु. 294.50 लाख रु. 29.45 लाख (26.11.2026) रु. 50,000/-	26.11.2026 दिसा सकाळचीं 11.00 ते सांजेचीं 04.00	खबर ना श्री. सुभाष चंद्रा जटाव (मोबायल क्रमांक: 9121866087) प्राधिकृत अधिकारी एआरएमी पूर्व दिल्ली

अटी आनी शर्तीं: ही विक्री 'सुरक्षीत हित (अंमलबजावणी) नेम, 2002' हातूंत निर्धारीत केल्ल्या अटी आनी शर्तीं प्रमाण आनी फुडले अतिरिक्त अटीं प्रमाण करतले. 1. मालमत्ता जशी आसा, जंय आसा, जशा स्वरुपांत आसा आनी जे किर्ते स्थितींत आसा त्याच तत्त्वाचेर विकतले. 2. वयले अनुसुचींत नमूद केल्ली सुरक्षीत मालमत्तेची तपशील म्हायती ही प्राधिकृत अधिकाऱ्याचे सर्वोत्तम म्हायती प्रमाण दिल्या, पूण जाहीरनाम्यांतले खंयचेय चुकी खातीर, चुकीच्या विधाना विशीं वा गाळिल्ल्या भागा विशीं प्राधिकृत अधिकारी जापसालदार आसचो ना. 3. सदर विक्री सकयल सय करपी अधिकाऱ्या वरवीं https://baanknet.com हे वेबसायटीचेर उपलब्ध करून दिल्ले ई-पावणी प्लॅटफॉर्म वरवीं ऑनलायन करतले. 4. विक्रीच्या अदीक तपशिला खातीर आनी अटी आनी शर्तीं खातीर उपकार करून https://baanknet.com आनी www.pnb.bank.in हाका भेट दिवचीं. 5. सगले कायदेशीर धकबाकी/ संबंदीत खर्च /हेर धकबाकी (नोंदणी खर्च, मुद्रांक शुल्क / स्टॅम्प ड्युटी, कर / खंयच्याय प्राधिकरणाचे शुल्क आदी.) खरेदीदाराक स्वताकूच सोंसचें पडटले. बँकेक म्हायती नाशिल्ले मालमत्ते वयले (ई-पावणी केल्ले) खंयच्याय शुल्का विशीं, वज्यां विशीं, भारा विशीं वा सरकार वा हेर कोणाच्याय खंयच्याय देया खातीर प्राधिकृत अधिकारी वा बँक जापसालदार आसची ना. ताका लागून इत्सूक बोलिदारांनी मालमत्ते वयली कायदेशीर धकबाकी, धकीत मालमत्ता कर, वीज बिल आदींचें वजें/भरपा संबंदी स्वतंत्र चवकशी करपाचो सल्लो दिता.

सरफेसी कायदो, 2002 च्या नेम 8 (6) खाला वैधानीक विक्री कळोवणी

तारीख: 07.11.2026 *सुवात: नवी दिल्ली* *प्राधिकृत अधिकारी, पंजाब नॅशनल बँक*